Aakashvani Panaji regional news 7.25 am 19 july 2025

गोंयात करीयराच्यो खुप संद्यो आसात, तशेंच नामांकित अश्यो शैक्षणिक संस्था गोंयांत आसात, ताका लागुन आपणे खंयचे शिक्षण घेतल्यार खंयचो करीयर करु येता ताचो सोद गोंयचो फुडार घडोवपी विद्यार्थ्यांनी घेवपाची गरज आसा अशे मुखेलमंत्री तशेंच शिक्षण मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. मुखेलमंत्री गोंय scert वतीन काल यत्ता 9 वी ते यत्ता 12 वीच्या विद्यार्थ्यांखातीर करीयर गायडन्स करपी Goa Career Navigator – 2025 ह्या कार्यावळीचे उक्तावण केले उपरांत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. ही कार्यावळ पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दिनानाथ मंगेशकर सभाघरात आयोजित केल्ली.शिक्षकांनी लेगीत विद्यार्थ्यांक करीयर गायडन्स करचे, ताचे खातीर शिक्षकांनी गोंयात आशिल्लया शैक्षणिक संस्थाचे काम समजुन घेवन विद्यात्र्यांकं ताचो लाव कसो जाव येता ते सागंचे अशे आवाहन हयावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.

---

National Assessment and Accreditation Council म्हळ्यार (NAAC) वरवी हल्लीच केलेल्या मूल्यांकन उपरांत NAAC कडल्यान गोंय विद्यापिठाक NAAC ची 'A ' GRADE फावो जाला. हे मानांकन 2030 मेरेन हे लागु आसतले. अभ्यासक्रम शिकोवप, विद्यार्थ्यांचे शिकप आनी शिक्षणाचे मुल्यांकन पध्दत, विद्यापिठात जावपी संशोधन, नवनिर्माण विस्तार कार्यावळी, मुळावी बांदावळ आनी शिकपाची साधनां हांच्या आदाराचेर; विद्यार्थ्यांची प्रगती, प्रशासन आनी वेवस्थापAAन, हे निकश लक्षात घेवन विद्यापिठाची श्रेणी naac थरायता राष्ट्रीय सांख्यिकी कार्यालयान पोरवोरीमच्या कौटिल्य लेख भवनांत कॉलेजी आनी विद्यापिठाच्या विद्यार्थ्यां खातीर क्विझ सर्त आंवेशा 2.0 आयोजीत करून राष्ट्रीय नमुनो सर्वेक्षणाची 75 वर्सां पुराय जालीं. भारताच्या डेटा चालीत शासनाची फाटीची कणो म्हणून वळखतात त्या एनएसएसान भलायकी, रोजगार, शिक्षण, उद्देग ह्या सारक्या क्षेत्रांतल्यान घटमूट डेटा एकठांय करून समाजीक-आर्थीक नियोजनांत मुखेल भुमिका साकारल्या. Byte

---

सरकारी कामकाजात ए.आय चो उपेग करुन, वेगान आनी सर्वसमावेशक भौशीक सेवा मुखार व्हरपा खातीर गोंय सरकार आनी गूगल एल.एल.सी हांचे मदीं बेरेस्तारा कबलात जाल्या. ए.आय यंत्रणेवरवी सेवा ऑटोमेशन, प्रत्यक्ष वेगवेगळ्या कामकाजाचेर पाळत आनी नियंत्रण दवरप, आपत्कालीन प्रतिसाद, हयो सेवा दिवपाक हया यंत्रणेवरवी सोपे जातले म्हण सराकरान ही कबलात केल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी गुगल एल.एल.सी कडे कबलात केल्या उपरातं दिल्या. सरकारी कर्मचाऱ्याकं आर्टीफीशल इन्टेलिजंन्सांचो उपेग कशा पद्दतीन करुन सुटसुटीत प्रसासकीय सेवा दिवपाक येंवक शकता हे विंशी गूगलचे कर्मचारी सरकार कर्मचाऱ्यांक प्रशिक्षण दितले. तंत्रगिन्यानाच्या जोडपालवान, तशेचं तरणाट्यापिटीक हया यंत्रणेच्या आदारान घडोवन बरे उदरगत जाल्ले विकसित गोंय करपाची मोख राज्य सराकारन दवरला अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

---

राष्ट्रीय सांख्यिकी कार्यालयावरवि पोरवोरीमच्या राष्ट्रीय नमुनो सर्वेक्षणाची 75 वर्सुकी दिसा निमतान काल अन्वेषा २. ० प्रसनमंजुषा सरत जॅकी. हि सरत परावरच्या कौटिल्य लेख भवनांत जाळी. हि सरत गोयांतल्या महाविद्यालय आनी विद्यापिठाच्या विद्यार्थ्यां खातीर आशिल्ली . हया सर्तींत ३७ पंगडानी वाटो घेतिल्लो.

---

पणजी वेधशाळेनं नोंद केलेल्या प्रमाण आयज पंजे उसात उणे तापमान २५ अंश सिलसिस असू येत आणि चडांत चाड तापमान २९ अंश सिलसिस असू येत. आयज दक्षिण आणि उत्तर गोयांत माध्यम पावस पदपाची शक्यताय आसा. वारे वराक ३० ते ४० km व्हांवताले आनी ताचो वेग ५० km वाडु येता अशे वेधशाळेन कळीत केला

---

बुध्दिबळांत ग्रॅण्डमास्टर कोनेरु हंपी, डी हरिका आनी आर वैशाली आनी आंतरराष्ट्रीय मास्टर दिव्या देशमुख हांणी फिडे संवसारीक बायला कारंडे सर्तींत उपांत्य फेर्यंत पावलं घाले . काल हया चारूय बायला खेळगड्यानी जॉर्जियाच्या बातुमी हांगा निमाण्या आठ पांवड्त प्रवेश मेळयलो . कोनेरू हंपी चीनाच्यो Song Yuxin आनी वैशाली चीनाच्या Tan Zhongyi हांचा ,मंदी खेळ जातलो जाल्यार दिव्या आनी हरिका आड खेळ जातलो .